# <u>मुंबय आयआयटी पदवीदान सुवाळ्याक मुख्यमंत्र्याची उपस्थीती</u>

ता. 14 ऑगस्ट 2017

23 श्रावण 1939

आयआयटी पदवीधरांनी आपल्या शिक्षणाचो उपेग फकत नोकरी वा वेवसायापूरतोच मर्यादीत न दवरता आयज संवसारामूखार दिसान दिस निर्माण जावपी गुंतागुंतीची आव्हांना सोडोवपाक करचो, अशें मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी सांगले.

मुख्यमंत्री हांलीच मुंबय आयआयटीच्या 55 व्या पदवीदान सुवाळ्यात उलयताले.

ह्या वेळार व्यासपीठाचेर सिप्ला फार्मास्युटिकल्सचे अध्यक्ष डॉ. युसूफ हमीद, आयआयटीच्या कार्यकारी मंडळाचे अध्यक्ष श्री. दिलीप संघवी, मोनाश विद्यापीठाच्या कुलगूरू आनी अध्यक्ष प्रा. मार्गरिट गार्डनर, कार्यकारीणीचे वांगडी, प्राध्यापक आनी संस्थेचे अधिकारी उपस्थीत आशिल्ले.

मुख्यमंत्र्यान फुडें सांगले, आयआयटी संस्थेत जेन्ना हांवे प्रवेश घेतील्लो तेन्नाची आनी आताची परिस्थीती खूप वेगळी आसा. आयज जगात नेटान बदल घडत आसा. तंत्रज्ञानाच्या प्रत्येक मळार नवी क्रांती जाल्ली आसा. ते खातीर आयच्या आयआयटी पदवीधरांनी नवीन नवीन तंत्रज्ञान शिकून घेवपाची गरज आसा. कोयरासारख्या समस्येक लागून आयज मनशाच्या भलायकेचेर तशेंच पर्यावरणाचेर वायट परीणाम जाता. ते खातीर कोयराचे वेवस्थापन आनी प्रक्रिया करपाखातीर तंत्रज्ञानाचो उपेग करप आयज आवश्यक जाल्ले आसा अशें सांगून मुख्यमंत्र्यान गोंयात आधुनिक तंत्रज्ञानाचो वापर करून उबारिल्ल्या कोयर प्रक्रिया प्रकल्पाची तशेंच कोयरापासून तयार जावपी बायोगॅसाचेर बस गाड्यो चलोवपाच्या प्रकल्पाचीय माहिती दिली.

श्री. पर्रीकर हांणी विद्यार्थ्यांक आपल्या आंगात देशभक्तीची भावना बाळगून सदाच देशाचो पयलो विचार करपाक सांगले.